# गोवा कोंकणी अकादेमी

## पणजी– गोंय

## येवजणेचें नांव : लिप्यांतरीत पुस्तकां प्रकाशन

( लिप्यांतरीत पुस्तका छापणावळीक 70% अर्थीक पालव )

## अर्जीपत्र

1. मूळ लेखकाचें नांव आनी पत्तो : ----------------------------
----------------------------
----------------------------
2. मूळ पुस्तकाचें नांव : ----------------------------
3. मूळ पुस्तकाची लिपी : ----------------------------
4. लिप्यांतर करप्याचें नांव आनी पत्तो : ----------------------------
5. प्रकाशकाचें नांव आनी पत्तो ------------------------
6. साहित्य प्रकार : ----------------------------
7. लिप्यांतरीत हातबरपाचें नांव ------------------------
8. पत्रवेव्हाराचो पत्तो आनी फोन नं. : ----------------------------
ई–मेल ----------------------------
----------------------------

* हांवें हे येवजणेची नेमावळ वाचल्या आनी ती म्हाका मान्य आसा.

तारीख : --------------- ------------------------

अर्जदाराची सय

( अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख :- 5|10|2023 )

अर्जिपत्रा सांगाताक जोडल्यातः

1) मूळ पुस्तकाची छापील प्रत
2) लिप्यांतरीत केल्ल्या वावराचें हातबरप ( 2 प्रती)
3) मूळ पुस्तकाच्या लेखकाचें मान्यतायपत्र
4) खात्रीपत्र

# गोवा कोंकणी अकादेमी

## पणजी- गोंय

### येवजणेचें नांव : लिप्यांतरीत पुस्तकां प्रकाशन

### ( लिप्यांतरीत पुस्तका छापणावळीक 70% अर्थीक पालव )

* येवजणेचें वर्स : ----------
* येवजणेचो उद्देश : कोंकणीच्या रोमा, कन्नड, मल्ल्याळम ह्या लिपींतलीं दर्जेदार पुस्तकां देवनागरीत लिप्यांतर करप वा देवनागरी, कन्नड आनी मल्ल्याळम लिपींतली दर्जेदार पुस्तकां रोमींत लिप्यांतर करप आनी दुसऱ्या लिपींतल्या दर्जेदार साहित्याची वाचकाक वळख करुन दिवप.

**येवजणेचे नेम :**

1) हे येवजणेखाला अकादेमी प्रकाशकाक/लेखकाक पुस्तकां प्रकाशीत करपाक आदार करतली.

2) मूळ लिपींत पुस्तक रूपान प्रकाशीत जाल्ल्या साहित्याच्या लिप्यांतराचो प्राधान्यक्रमान विचार जातलो. ( अप्रकाशीत वा नेमाळ्यांत क्रमान येवपी साहित्य विचारांत घेवचे नात)

3) मूळ पुस्तकांचीं छापील पानां कमीत कमी 100 आनी चडांत चड 150 मेरेन आसपाक जाय. पानांचे संख्ये संबंदी आकादेमी निर्णय घेतली.

4) हे येवजणेखाला निवड जाल्ल्या पुस्तकाच्यो 500 प्रती छापपाक अकादेमी छापणावळीचो 70% खर्च प्रकाशकाक/ लेखकांक दितली.

5) हे येवजणेखाला अर्ज प्रकाशकान सादर केल्यार, सादर केल्ल्या हातबरपावांगडा अर्जदारान मूळ बरोवप्याचें वा तो हयातीत नासल्यार ताच्या वारसदाराचें छापणावळीखातीरचें मान्यतायपत्र अकादेमीक सादर करचें पडटलें. मूळ पुस्तकाचो स्वामीत्व हक्क सोपल्यार अश्या मान्यतायेची गरज आसची ना.

6) लिप्यांतर करप्यान अर्ज केल्यार मूळ पुस्तकाची एक छापील प्रत लिप्यांतरा सांगाताक धाडूंक जाय. लिप्यांतराचें हातबरप टायपसेट केल्लें आसूंक जाय.

7) अकादेमीन नेमिल्ल्या तज्ञाच्या अभिप्रायाप्रमाण अर्जासंबंदान निर्णय घेवप जातलो.

8) टायपसेट केल्ल्यो हातबरपाच्यो दोन प्रती अकादेमीक सादर करच्यो पडटल्यो.

9) हे येवजणेखाला मान्य जाल्ल्या पुस्तकाच्या लेखकाक वा लिप्यांतर करप्यांक मानधन अकादेमी दिवंची ना, तर ते संबंदीचो वेव्हार स्वता लेखकान वा अर्ज करपी प्रकाशक आसल्यार प्रकाशकाकडेन करचो पडटलो.

10) हे येवजणेखाला एका लेखकाक वर्सांक एकाच पुस्तकाक अकादेमी अर्थीक पालव दितली.

11) गोवा कोंकणी अकादेमीकडल्यान लेखकाक ज्या पुस्तकाक अर्थीक पालव मान्य जाला , त्या पुस्तकाखातीर खंयचेय दुसरे संस्थेकडल्यान वा व्यक्तीकडल्यान अर्थीक आदार घेवपाक ताका मेकळीक आसचीना.

12. अर्थीक पालव मंजूर जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्या भितर पुस्तक छापून येवचे पडटलें आनी ताच्यो 50 प्रती खर्चाच्या प्रमाणीत केल्ल्या बिलासयत अकादेमीक सादर करच्यो पडटल्यो. नाजाल्यार मंजूर जाल्लो अर्थीक पालव रद्द जातलो.

13. खंयचेय प्रक्रियेवेळार, अकादेमीच्या खंयच्याय नेमाचो अर्जदाराकडसून भंग जाला अशें अकादेमीचे नदरेक आयलें तर मान्य जाल्ली रक्कम आडावन दवरप, रद्द/उणें करप वा दिल्ल्या अनुदानाची व्याजासयत वसुली करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

14. वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

*******************